## Akashvani Panaji Goa National Bulletin 8.40am 19.03.24

- प्रधानमंत्री आर्न भातयाचे वडील पुपारी नरेंद्र पलकर शगंज रोड शो वरती घणूक प्रचार मोहीम सुरू आहे
- प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वडील फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी काल कर्नाटक "आनी तेलंगणा हांगा वैचणुक रॅलींत उलोवप केलें.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी नागरी सेवा अधिकाऱ्यांक कार्यक्षम आनी स्मार्ट प्रशासना खातीर आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स, ब्लॉकचेन आनी बिग डेटा एनालिटिक्स ह्या नव्या तंत्रगिन्यानाचो वापर करपाक सांगलां.
- लोकसभा वैचणुके आदीं कांय अधिका-यांची बदली करपाचो आदेश वैचणूक आयोगान दिला.
- इंदिरा गांधी नॅशनल सेंटर फॉर द आर्ट्स (आयजीएनसीए) चो 37 वो 5 स्थापणूक दीस आयज सावन नवी दिल्लीतल्या आयजीएनसीए परिसरांत मनयतले.
- स्वत्झर्लंडांतल्या बाझेल शारांत आयज 2024 वर्साची स्विस ओपन सुपर 6 300 बॅडमिंटन सर्त सुरू जातली.

ह्यो आशिल्ल्यो कांय मुखेल खबरो आना पुराय खबरो

STORY

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी नागरी सेवा अधिकाऱ्यांक कार्यक्षम आनी स्मार्ट प्रशासना खातीर आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स, ब्लॉकचेन आनी बिग डेटा एनालिटिक्स ह्या नव्या तंत्रगिन्यानाचो वापर करपाक सांगलां. गिरेस्त आनी विंगड विंगड अणभवांनी नव्या विचारांचो आनी नव्या तंत्रगिन्यानाचो अभिसरण जाल्ल्यान कल्पना लेगीत करूंक शकनात इतले प्रभावी बदल घडोवन हाडूंक शकतात अशें ताणीं सांगलें. राष्ट्रपती मुर्मू आयज राष्ट्रपती भवनांत राज्य नागरी

सेवा अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन करताल्यो. मुसूरीच्या लाल बहादुर शास्त्री नॅशनल ॲकॅडमी ऑफ एडमिनिस्ट्रेशनांतल्या 125 व्या प्रेरण प्रशिक्षण कार्यावळींत हे अधिकारी वांटेकार जाल्यात.

खंयचेंय उदरगतीचें काम हातांत घेतना टिकावूपण आनी समावेशकता सदांच मतींत दवरची अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें. संवसारीक उश्णताय आनी हवामान बदलाच्या धोक्यांक तोंड दिवन संवसाराक पर्यावरणाक अनुकूल पद्दती आपणावपा खातीर आनी टिकावूपणाक चालना दिवपा खातीर तांणी अभिनव उपाय करप गरजेचें अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें.

Election Commission

लोकसभा वैचणुके पयलीं सरकारी अधिकाऱ्यांची व्हड प्रमाणांत बदली करपाचो आदेश वेंचणूक आयोगान दिला. अस्तंत बंगालच्या पुलीस महासंचालका सयत स राज्यांतल्या गृह सचिवांची अधिभार काडून घेवपाचो आदेश आयोगान दिला. तातूंत गुजरात, उत्तर प्रदेश, बिहार, झारखंड, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांतले गृह सचिव आस्पावता अशें सूत्रांनी सांगलें. मिजोरम आनी हिमाचल प्रदेशांतल्या सामान्य प्रशासकीय खात्याचे सचिवांची बदली केल्या. ते भायर बृहानमुंबय नगरपालिका आयुक्त इकबाल सिंग चहल तशेंच अतिरिक्त आयुक्त आनी उपायुक्तांचो अधिभार काडून घेवपाचो आदेश आयोगान दिला दिला.

राज्य डीजीपी राजीव कुमार हांकां काडून उडयल्या उपरांत आयपीएस अधिकारी विवेक सहाय हाची अस्तंत बंगालाचो फुडलो डीजीपी म्हणून नेमणूक जाल्या.

KERALA-PM ROADSHOW 70

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वडील फुडारी नरेंद्र मोदी केरळांत आयज सकाळीं पलक्कड शारांत एनडीए उमेदवारांक तेंको दिवपा खातीर रोडशो वरवी वेंचणुक प्रचार मोहीम सुरू करतले.

कोट्टा मैदान ते शारांतल्या मुखेल टपाल खाते रस्त्या मेरेन एक किमी हो रोडशो जातलो. रोडशो उपरांत प्रधानमंत्री मोदी तमिळनाडूंतल्या सलेम हांगा वतले आनी आयज दनपारां थय भौशीक बसकेंत उलोवप करतले.

काल सांजे ताण कोयंबतूरांत रोडशो केलो. तशेंच 1998 वर्सा कोयंबटूरांतल्या सिरियल बॉम्ब स्फोटानी मरण आयिल्ल्यांक आर्गा ओपली.

Prime Minister Karnataka and Telangana 130

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वडील फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी काल कर्नाटक आनी तेलंगण हांगा वैचणुक रॅलींत उलोवप केलें. भाजपान उदरगतीखातीर केल्लो वावर पुराय देशान पळयला अशे कर्नाटकांतल्या शिवमोग्गा जिल्ह्यांत जाल्ले भौशीक बसकेंत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी इंडीया आघाडीक हांणी सांगले. दुसरे वटेन आय.एन.डी.आय.ए गटाक भ्रश्टाचार आनी शांतताय राजकारणा खातीर वळखतात अशें प्रधानमंत्र्यानी सांगलें. काँग्रेस खोटी आश्वासना दिवपात बेसबरी आसा असो आरोप तांणी केला. उपरांत सांजे प्रधानमंत्री मोदी हाणी तमिळनाडूंतल्या कोयंबतूर हांगा रोडशो केलो.

हाचे आदीं ताणी तेलंगणाच्या जगतियाल हांगा भौशीक बसका घेतली. हे वेळार उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हाणी काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हाणी शक्ती विशीं केल्ल्या उलोवपा खातीर टिका केली. चंद्रयान-3 चो लँडर विक्रम चंद्राच्या ज्या सुवातेर देंवलो त्या सुवातेक 'शिव शक्ति पॉयंट' अशें नांव दिलां अशें तांणी

सांगलें. प्रधानमंत्री मोदी हांणी आपल्या उलोवपाचो अर्थ घुंवडायला असो आरोप सोशल मिडिया पोस्टांत राहूल गांधी हाणी केला.

**आयजीएनसीए 40**

इंदिरा गांधी नॅशनल सेंटर फॉर द आर्ट्स (आयजीएनसीए) चो 37 वो स्थापणूक दीस आयज सावन नवी दिल्लीतल्या आयजीएनसीए परिसरांत मनयतले. तीन दिसांच्या महोत्सवांत वेगवेगळ्यो कार्यावळी घडोवन हाडटले, तातूंत शास्त्रीय गायन, वाद्य, नाच, फुलांची होळी, जायत्यो कार्यशाळा आनी टोपली प्रदर्शन हांचो आस्पाव आसतलो.

**KARNATAKA-CM WATER SHORTAGE 130**

कर्नाटकाचे मुख्यमंत्री सिद्धरमैया हांणी जून म्हयन्याच्या निमाणे मेरेन बेंगळुरु शाराक फावो तितले पिवपाचें उदक मेळटलें हाची खात्री दिल्या. अधिका-यां कडेन बसके उपरांत खबराकारांकडेन ते उलयताले. कृष्णराजसागर धरणांत 11.02 टीएमसी उदका सांठो आनी कबिनी धरणांत 9.02 टीएमसी सांठो आसा अशें तांणी सांगलें. हे उदक बेंगळुरूच्या पिवपाच्या उदकाची गरज भागोवपाक पुरो जातलें.

तशेंच कावेरी फेज 5 प्रकल्प बेगीन पुराय जाले उपरांत बेंगळुरूक 775 एमएलडी अतिरिक्त उदक मेळटलें अशी म्हायती तांणी दिल्या. 14000 सरकारी बोरवेलांतले 6900 बोरवेल सुकल्यात आनी 313 सुवातेर नवे परन बोरवेल करपाचे आनी 1200 निश्क्रीय बोरवेल सुरु करपाचे आदेश दिल्यात अशे अशें सिद्दारमैया हांणी सांगलें. शारांत उदका पुरवण करपा खातीर खाजगी उदका टँकर आनी दुद फेडरेशन टँकर वापरपाची सुचोवणी जारी केल्या अशें तांणी सांगलें. मजतीखातीर

अतिरिक्त हल्पलायन उगडटले. उदका वांटप वेवस्थेचेर देखरेख दवरपाखातीर तज्ञ समिती नेमतले.

## India-Cabo Verde

भारत आनी काबो व्हर्दे हांचे मर्दी विदेश वेव्हार कार्यालयाची सल्लागार बसका आयज काबो व्हर्देच्या प्रायांत जाली.

सल्लागारांनी बसकेत सहकार्याचे वेगवेगळे मळांचेर चर्चा केली, तातूंत राजकी सहकार, अर्थीक भागीदारी, उदरगतीची मजत, संस्कृतीक आदान-प्रदान, बहुपक्षीय मंचांचेर सहकार्य हांचो आस्पाव आशिल्लो. हे बसकेचे जोड - अध्यक्षपद विदेश वेव्हार मंत्रालयची अतिरिक्त सचीव (मध्य आनी अस्तंत आफ्रिका), सेवाला नायक मुडे आनी काबो व्हर्देचे विदेश वेव्हार आनी सहकार राज्य सचीव डॉ. मिरियन ड्जामिला सेना व्हिएरा हांणी सांबाळके

ह्या सल्लागार बसका वरवी दोनूय वटांनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर आपलीं मतां समन्वयीत करपाची संद मेळ्ळी आनी बहुपक्षीय मंचाचेर आपलो सहकार वाडोवपाक दोनूय वटांनी घट्टपणान मान्यताय दिली. भारतान फाटल्या वर्सा काबो व्हर्देत आपलें मिशन सुरू केल्ल्यान द्विपक्षीय संबंदांत नवी गती आयल्या. भारत आनी काबो व्हर्दे हांचे इश्टागत आनी सहकार्याचे बऱ्याच काळासावन आशिल्ले संबंद आसात. भारत आनी काबो व्हर्दे हांचेमदल्या द्विपक्षीय वेपारांत उंचेल्या पांवड्यार पावपाची तांक आसा.

## Bulgaria

बल्गेरियाचे राष्ट्राध्यक्ष रुमेन रादेव हांणी हायजॅक केल्ल्या बल्गेरियाच्या एम.व्ही. रॉइन जहाजाची येसस्वी सोडवणूक केल्ले खातीर भारतीय नौदलाचे उपकार मानले. भारतीय नौदलान एम.व्ही. रॉइन जहाज आनी कामगारांक सोडयले,

तातूंत 7 बल्गेरियन नागरिकांचो आस्पाव आसा अशे ताणीं केलेल्या सोशल मीडिया पोस्टात सांगले..

हाचे आदीं बल्गेरियाचो परराश्ट्र मंत्री मरिया गॅब्रिएल हिणें बल्गेरियांतल्या भारतीय राजदूत संजय राणा कडेन संवाद सादलो आनी बल्गेरियाच्या नागरिकांक सोडयल्ल्या खातीर तांचो उपकार मानलो. सगळ्या खलाशींची भलायकी बरी आसा आनी सध्या बल्गेरियांत परत येवपाचे यत्न सुरू आसात अशें तिणें सांगलें.

STORY

स्वित्झर्लंडांतल्या बाझेल शारांत आयज स्विस ओपन सुपर 300 बॅडमिंटन सर्तीची 2024 वर्साची आवृत्ती सुरु जातली. दादल्यांच्या एकोड्या सर्तीत सातवो मानांकित भारताचो लक्ष्य सेन पयले फेरयेंत मलेशियाच्या लियोंग जून हाओ आड आपली मोहीम सुरु करतलो जाल्यार किदम्बी श्रीकांत तैवानाचो वांग त्झू-वी हांचे आड खेळटलो. बायलांच्या एकेरी एकोड्या सर्तीत चवथे मानांकन आशिल्ली पी व्ही सिंधुची पयले फेरयेंत जर्मनीची यिव्होन ली हांचे कडेन खेळतली.

बायलांच्या दोट्टी गटाच्या सर्तीत अश्विनी पोन्नाप्पा आनी तनिशा क्रास्टो हांची सवे मानांकन आशिल्ली जोडी इंडोनेशियाची मेलिसा ट्रायस पुस्पितासारी आनी राचेल अलेसिया रोझ हांचे आड खेळटली जाल्यार ट्रीसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद हांची जोडी अमेरिकेच्या एनी जू आनी केरी जू हांचे कडेन खेळतली.